**सरकारी वाणिज्य आनी अर्थशास्त्र महाविद्यालयावतीन ई-कोयर एकटाय करपाची मोहिम**

ता. 30 मार्च 2022

बोर्डा मडगांवच्या सरकारी वाणिज्य आनी अर्थशास्त्र महाविद्यालयावतीन 1 ते 15 एप्रिल 2022 मेरेन ई-कोयर एकटाय करपाची मोहिम राबोवपात येतली. "करो संभव" ह्या उत्पादक जापसालदारकी संघटनेच्या सहकार्यान ही मोहिम राबोवपात येतली.

E-Waste मोहिम मडगांव आनी सरभोवतणच्या वांठारांतल्या नागरिकांखातीर उकती आसा. ह्या मोहिमेवरवीं मोबायल फोन, बॅटरीस, सर्व्हर, पॉव्हर कॉर्ड, केबल्स, सीपीयू, सीआरटी/एलईडी/एलसीडी मॉनिटर्स, कि-बोर्ड, माऊस पॉवर सप्लायस, हार्ड ड्रायव्हस, लॅपटॉप, नोटबुक्स, चार्जर्स, टॅब्लेट्स, प्रिंटर्स, कॅट्रिजीस, मॅडिकल डिवायसीस, एडॉप्टर्स, टीव्ही, स्मार्ट वॉचीस, पॅनड्रायव्हस, रिमोट्स, फ्रिज, वॉशिंग मशीन आनी हेर ई-कोयर स्विकारतले. ट्युबलायट्स स्विकारचे नात.

नागरिक/वेपारी आस्थापनां/घरमालकांनी आपलो ई-कोयर महाविद्यालयाच्या आवारात सॅक्युरिटीकडेन दिवचो, अशी विनंती केल्या.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/210

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji